Panaji Regional 31st October 2025 7.25am

गणेश 100

गोंयकारांची घरां वाटावपा खातीर सरकारान म्हजे घर येवजण सुरू केल्या, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. पर्वरी मतदारसंघात म्हजे घर येवजणेच्या अर्ज वाटपाच्या कार्यावळीत ते उलयताले. सरकारी, कोमुनिदाद तशेच खाजगी जमिनीतली अनधीकृत घरां अधीकृत करपी येवजणेच्या अर्जांचे वांटप करपी कार्यावळी सुरू आसा. काल पर्वरी आनी साळगाव मतदारसंघात कार्यावळी जाल्यो.पर्वरे जाल्ले कार्यावळीत पर्यटनमंत्री रोहन खंवटे, राज्यसभा खासदार सदानंद शेट तानावडे हाजीर आशिल्ले.सरकाराक कोणाचेच घर मोडपाचे ना. न्यायालयाच्या आदेशाक लागून उपजिल्हाधिकाऱ्याक घर मोडपाच्या आदेशाची कार्यवाय करची पडटा अशें प्रकार बंद करपा खातीर सरकारान म्हजे घर येवजण सुरू केल्या. जानी विरोध केलो त्या विरोधकांक मात घरां नियमीत जाल्ली नाका, असो आरोप मुखेलमंत्र्यांनी केलो.

रश्मी 90

मांद्रे मतदारसंघात काल म्हजे घर कार्यावळ जाली. मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत,मांद्रेचे आमदार जीत आरोलकार, राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे, बाल भवनाचे अध्यक्ष आनी मांद्रेचे आदले आमदार दयानंद सोपटे उत्तर गोय जिल्होधिकारी अंकीत यादव तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले. घरा नावार करपी म्हजे घर हो उपक्रम गोंयच्या बऱ्याचश्या नागरीकांक थाकाय दीवपी आसा अशे मत ह्यावेळार जीत आरोलकार हांणी उक्तायले.

म्हजे घर उपक्रम कायद्याच्या चौकटीन तयार केला. सर्वसामान्यांची घरा जी कीचकट प्रक्रीयेक लागुन कायदेशीर जावपाची अडकुन उरता, अशा सगळ्या घरांक कायदेशीर करपाची प्रक्रीया म्हजे घर येवजण सरकारान चालीक लायला अशे मुखलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी सांगले.

रश्मी /महेश 120

मुखेल सरकारी म्हामंडळां आनी संस्थांचे व्हड प्रमाणात फेरबदल करताना,गोंय सरकारान जायत्या संस्थांनी नवे अध्यक्ष नेमल्यात. गोंय खादी आनी ग्रामोद्योग मंडळाचे अध्यक्ष

म्हणून कुठठाळीचे आमदार आंतोनियो वास हाची नेमणूक जाल्या, जाल्यार आदले उपमुख्यमंत्री चंद्रकांत कवळेकार कला अकादेमीचे अध्यक्ष आसतले. गोविंद पर्वतकार हांची गोंय शिक्षण उदरगत म्हामंडळाचे अध्यक्ष म्हणून नेमणूक केल्या, आनी संकल्प आमोणकार सांडपाणी आनी मुळावी बांदावळ उदरगत म्हामंडळाचे अध्यक्ष आसतले. दयानंद सोपटे हांची बाल भवनाचे अध्यक्ष म्हूण, जाल्यार केदार नायक हांची गोंय पर्यटन उदरगत म्हामंडळाचे अध्यक्ष म्हणून नेमणूक केल्या.गोंय राज्य मुळावी बांदावळ उदरगत म्हामंडळाचे अध्यक्ष आतां मायकल लोबो आसतले , तर दयानंद मांद्रेकार हांची गोंय राज्य अनुसुचीत जाती आनी हेर मागासवर्गीय वित्त आणि विकास महामंडळाचे अध्यक्ष म्हणून नेमणूक जाल्या.ते भायर गोंय कायदो आयोगाचे नवे अध्यक्ष म्हणून अलेक्स सेक्विरा हांची नेमणूक जाल्या.

राजेश 30

साखळी नगरपालिका वाठारात रावपी  नागरिकांनी येता त्या  काळात सोलर पॅनल बसोवपाच्या नदरेतल्यान मुखार सरपाची गरज आसा अशें नगराध्यक्ष सिद्धी प्रभू पत्रकाराकडे उलयताना सांगले. हया वेळर उपनगराध्यक्ष दयानंद बोर्येकर, नगरसेवक आनंद काणेकर हजर आसले.

सुशांत  40

गोंय मुक्ती चळवळीतले म्हालगडे सुटके झुजारी वामन प्रभूगावकार हे काल  सकाळी पिराएच्या ८७ वर्सा संवसाराक अंतरले.. तांच्या फाटल्यान घरकान्न सुमन, पूत अमित आनी नातरां असो परिवार आसा. आयज दनपरा तांचे कुडीचेर मडगावच्या मठग्रामस्थ हिंदूसभेच्या मसंडभुंयेत निमणे संस्कार जाले.

सुभाष 30

गोवा राज्य शिक्षणीक संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळ, गोंय, गोवा विज्ञान केंद्र मीरामार आनी  गोंय आनी नेहरू विज्ञान केंद्र, मुंबय हांच्या सहकार्यान, २६  ते २८  नोव्हेंबर २०२५  मेरेन राज्य पांवड्यार विज्ञान प्रकल्प सर्त आयोजीत केल्या.

Weather – 50

पणजे काल चडांत चड तापमान 32.2 अंश सेल्सियस नोंद जालां. फुडले स दीस राज्यांत चडांत चड तापमान 33 अंश सेल्सियस मेरेन पावपाची शक्यताय

हवामान खात्यान उक्तायल्या. 31 ऑक्टोबर ते 1 नोव्हेंबर ह्या काळांत वाऱ्याचो वेग वराक 35 ते 45 किमी. आसपाची शक्यताय आशिल्ल्यान नुस्तेमारांनी दर्यांत वच्चें न्हय, अशें कळयला.

Cricket – 30

भारतान बायलांचे संवसारीक वन डे क्रिकेट सर्तीचे फायनलींत सुवात मेळयली. नवी मुबंईत  डी व्हाय पाटील स्टेडियमाचेर जाल्ले दुसरे सेमी फायनलींत ताणें   ऑस्ट्रेलिया पंगडाक 5 विकेटींनी हारायलो.

भारत आतां आयटर  जावपी फायनलींत दक्षीण आफ्रिका पंगडा आड खेळटलो.

निखील 40

जिमनास्टीक फेडरेशन ऑफ इंडिया GFIन गोंयच्या खेळां आनी तरणाटे वेव्हार संचालनालय आनी गोवा खेळां प्राधिकरणाच्या सहकार्यान 14 वी अॅक्रोबॅटिक जिमनास्टीक आशियाई चॅम्पियनशिप 2025 जाहीर केल्या .ही चॅम्पियनशिप 31 ऑक्टोबर ते 2 नोव्हेंबर 2025 मेरेन सकाळीं 10:00 वरांचेर पेड्डेम इनडोर स्टेडियम, करसवाडा,  मापसा  जातली.